**12 मार्चाक राष्ट्रीय लोक अदालत**

ता. 9 मार्च 2022

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणान 12 मार्च 2022 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर गोंय राज्यांत मुंबय उच्च न्यायालय, गोंय, उत्तर आनी दक्षीण जिल्हा न्यायालय आनी गोंय राज्यांतल्या सगळ्यां तालुका न्यायालयांनी राष्ट्रीय लोक अदालतीचे आयोजन केला. लोक अदालतीत दावो याचिका, जमीन संपादन, 138 एनआय कायदो, वसुली, सेवा, लग्नांसंबंदी, खास नागरी याचिका, तडजोड गुन्यांवकारी प्रकरणां निकालात काडपात येतली.

वकील आनी याचिकादारांनी आपली प्रकरणां लोक अदालती वरवीं सोडोवपाखातीर संबंदीत न्यायालयांनी संपर्क करचो. फुडली लोक अदालत 25 जून 2022 दिसा जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/163

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji